# REVISED COPY

## माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

## २२-२-२०१८

भौमानेस्त सदस्य,

१. समारोपाचे उलोवप करचे पयली हांव सभाघरा वतीन आमचे माननीय मुखेलमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, हांची भलायकी बेगीन सुदारची अशी प्रार्थना करता.

२. खरें म्हणजे, हें, Full Time Budget Session आशिल्ले, जे १९ फेब्रुवारी २०१८ ते २१ मार्च २०१८, पयत, चलचें आसले, पुण माननीय मुखेलमंत्र्यांची तब्बेत अचानक बिघडल्या कारणान आनी सगळया सदस्यांच्या शिफारशी नुसार परत एकदा कामकाज सल्लागार समितीची बसका घेवन, हें अधिवेशन, एकमतान अल्प कालावधीचें करचें पडले देखून हें अधिवेशन फक्त ४ दिसांचे हाडचें पडले. १९ फेब्रुवारी ते **२२** फेब्रुवारी, **२०१८,** पर्यंत चलपी हें अधिवेशन , Vote on Account घेवून आनी Budget मांडून, आटोपलें गेलें.

**३.** १९ फेब्रुवारी २०१८, ह्या दिसा, मानादिक राज्यपालांच्या अभीभाषणांपासून, ह्या अधिवेशनाची सुरुवात जाली. त्या उपरांत राज्यपालांच्या अभीभाषणांची प्रत सभाघराच्या पटलाचेर दवरली. ह्या अधिवेशनांत, वट्ट ४ बैठको जाल्यो आनी तातून 20+ वरां आनी १५ मिं. च्या कालावधीन सभागृहान कामकाज जाले.

४. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, ९०५ तारांकित आनी १,४८८ अतारांकित अश्यो वट्ट एकूण २,३९३ प्रश्नांखातीर सुचोवण्यो आयल्यो. तातून ८७२ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी १२ तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ल्या ९२ तारांकित आनी ३२२ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभाघराच्या पटलाचेर दवरल्यो.

५. मानादिक राज्यपालांच्या अभीभाषणांचे उपकार आठोवपी प्रस्ताव, श्री.ग्लेन टिकलो, हांणी मांडलो. ह्या प्रस्तावाक श्री.राजेश पाटणेकर आनी श्री.नीलेश काब्राल, हांणी, अनुमोदन दिले.

६. दिनांक २० आनी २१ फेब्रुवारी २०१८, दिसामेरेन, २२ दुरुस्त्यो सयत, आभारदर्शक प्रस्तावांचेर सभागृहांन चर्चा जाली. त्या उपरांत, माननीय भौशिक बांधकाम मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर, हांणी, चर्चेक जाप दिली. ह्या प्रस्तावाक सादर जाल्ल्यो २२ दुरुसत्यो सभाघराच्या मतदानांक घालून, त्यो दुरुसत्यो सभागृहांन न्हयकारल्यो. उपरांत राज्यपालांच्या अभीभाषणांचे उपकार आठोवपी प्रस्ताव, सभागृहांन, २१ फेब्रुवारी २०१८, ह्या दिसा संमत केलो.

७. सभागृहान संमत केल्ल्या ५ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्ल्याचे सभाघराच्या निदर्शनाक हाडले. २ सरकारी विधेयकां सभाघरा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली.

८. कामकाज सल्लागार समितीचो पयलो अहवाल (२०१८) सभाघरा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

९. ह्या अधिवेशनान, ८ शोक निर्देशक सुचना, आनी २ अभिनंदनांचे प्रस्ताव, सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान आयिल्लीं १५

कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ६ लक्षवेधी सुचना आनी १४ शुन्यकाळाचे उल्लेख, ह्या अधिवेशनान केले.

**१०.** अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१७-२०१८ (तिसरो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन, मतदानांक घालून, सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताज्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, २०१८, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभाघरान विधेयक संमत केले.

११. २२ फेब्रुवारी २०१८, ह्या दिसा, २०१८-२०१९ वर्सा खातीर गोंय राज्याचो अर्थसंकल्प, विधानसभेंत मुखेलमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर, हांणी सादर केले.

१२. २०१८-२०१९, ह्या वर्साखातीर लेखानुदान सभागृहामुखार सादर करून, चर्चा जावन आनी मतदानाक घालून संमत केले. ताज्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, (लेखानूदान) २०१८, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभाघरान विधेयक संमत केले.

**१३.** हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे सगळे माननीय मंत्री, माननीय मुखेलमंत्री, माननीय विरोधी पक्ष नेते, माननीय उप-सभापती, विंगड-विंगड पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे **मानेस्त** आमदार, सहकारी, हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकां धन्यवाद दिता.

**१४.** विधिमंडळाचे सचिव अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१५. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी खबरापत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले, तांचोय हांगा विशेश उल्लेख करतां.

१६. सोपयच्या पयली, तुमच्या नजरेन हाडता की उरील्ली तारांकित आनी अतारांकित प्रश्न जे तारीख २३ फेब्रुवारी ते २१ मार्च २०१८, हें, अधिवेशन, curtailed जाल्याखातीर, हें प्रश्न lapsed झाले, आनी ते तुमकां येता त्या अधिवेशनाक परत मांडपा खातीर नव्यान नोटीशी दिवच्यो पडटल्यो.

१७. माननीय सदस्यांनी, विधानसभेंत महत्वाचे, अर्थपूर्ण आनी सामके तातडीचे भौशीक महत्वाचे विशयाचेर चर्चा करची, कारण की आमी जनतेचे प्रतीनीधी आसा, आनी आमी तांका जबाबदार आसा. आमी संस्दीय नेम पाळून लोकशाही आनी घटमुट करपाखातीर आमचो प्रयत्न आसचो. गोयच्या जनतेन वेचून दिल्ले जापसालदार लोकप्रतिनिधी ह्या नात्यान आमचे सभाघरातलें वर्तल, शब्दांचे चयन आनी चर्चेचो दर्जो हाचेर आमी लक्ष दिवपाची गरज आसा. कामकाज हासत-खेळत जावचें, हास्यास्पद न्हय! आमी ही काळजी घेऊया.

***



P.T.O.

१८. ही विधानसभा मार्च २०१७ पासुन अस्तित्त्वात आयल्या पासुन, ते आयज पर्यंत एकूण सहा नविन सरकारी विधेयंका हया सभाघरा मुखार आयल्ली तातूत्यान, पांच विधेयंका संमत झाली ती म्हणजे:

1. The Goa Aadhar (Targeted Delivery of Financial and Other Subsidies, Benefits and Services) Bill, 2017.
2. The Goa Appropriation Acts (Repeal) Bill, 2017
3. The Goa Protection of Interests of Depositors (In Financial Establishments) (Amendments) Bill, 2017
4. The Goa Compensation to the Project Affected Persons and Vesting of Land in the Government, Bill, 2017.
5. The Goods and Services Tax Bill, 2017.

The Goa Requisition and Acquisition of Property Bill, 2017, हे विधेयक, चिकित्सा समिती कडे धाडले गेले आनी एकूण २८ दुरूस्ती विधेयंका हया सभाघरान संमत झाली.

१९. आता आमी राष्ट्रगिता खातीरं उबे रावूया.

२०. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

*****